# गोंयच्या कलाकारांनी नवी दिल्लीत राष्ट्रपतीची भेट घेतली

ता. 31 जानेवारी 2020

प्रजासत्ताक दिसा नवी दिल्लीत गोंय राज्याच्या चित्ररथ मिरवणूकीत सहभागी जाल्ल्या कलाकारांच्या पंगडान म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याच्यो संचालक श्रीमती मेघना शेटगांवकर, म्हायती अधिकारी प्रकाश नायक, पालवी म्हायती अधिकारी शांतो नायक हांच्या वांगडा राष्ट्रपती भवनात भेट दिवन राष्ट्रपती श्री. रामनाथ कोविंद हांची भेट घेतली.

प्रजासत्ताक दीस सांस्कृतीक मिरवणूकीत राजपथाचेर चित्ररथा वरवीं जैवविविधताये सयत गोंयच्यो दर्यावेळों, संस्कृती आनी जीणेशैलीचे दर्शन घडयिल्लेखातीर राष्ट्रपतीन कलाकार पंगडाची आनी अधिकाऱ्यांची तोखणाय केली. मे. विनायक डेकोरेटर्सचे मालक श्री. सिध्देश देसाय हांणी चित्ररथ तयार करून राजपथावयल्या चित्ररथ मिरवणूकीत प्रदर्शीत केलो. प्रजासत्ताक दीस सांस्कृतीक मिरवणूकी उपरांत देशातली हेर राज्यां आनी संघप्रदेशांच्या चित्ररथांसयत गोंयचो चित्ररथ लोकांक पळोवपा खातीर नवी दिल्लीच्या लाल किल्ल्यासामकार 31 जानेवारी मेरेन प्रदर्शीत केल्लो.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/93

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA